# गोमॅको पीजी अभ्यासक्रमा खातीर 50% राज्य सुधारीत कोटाची मेकळीक करतले: 30 एप्रिलाक पयली फेरी

पणजी:- 23 एप्रिल, 2020

वैशाख 03, 1942

कोविड-19 च्या उद्रेकाक लागून आमच्या देशांत लॉकडावन आशिल्ल्या कारणान, शिक्षणीक वर्स 2020-21, पदव्युत्तर एमडी/एमएस/ पदविका अभ्यासक्रमा खातीर 50% राज्य कोटा समुपदेशन सयत प्रवेश दिवपाक सुधारीत पार्ट कोटाची मेकळीक दिवपाचो निर्णय गोंय वैजकी महाविद्यालयान घेतला.

अंतीम गुणवत्ता यादी 27 एप्रिल, 2020 दिसा (सांजेर 5.00 वरां मेरेन) गोमॅको-च्या नोटीस बोर्डार आनी गोमॅको वॅबसायटीर प्रदर्शीत करतले.

प्रत्यक्ष/ ऑनलायन राज्य समुपदेशन सयत प्रवेशाची पयली फेरी 30 एप्रिल, 2020 दिसा जातली. सकाळच्या सत्रांत 10.00 ते 1.00 मेरेन गुणवत्ता क्रमांक 01 ते 100 मेरेन A आनी E गटा खातीर आस्तली. दनपारच्या सत्रांत 3.00 ते 6.00 मेरेन A गुणवत्ता क्रमांक 100 ते 209 B,C,D आनी E गटा खातीर आसा.

प्रवेशाची सुवात: नवें प्रेक्षागार (ऑडिटोरीअम) आनी परिक्षा सभाघर, मेन कॉलेज बिल्डिंगे फाटल्यान, गोंय वैजकी महाविद्यालय कॉम्पलॅक्स, बांबोळें.

ऑनलायन समुपदेशन सयत प्रवेशा खातीरची तरा: विडिओ कॉन्फरन्सींगा वरवीं वॅब एक्स प्लॅटफॉर्म वापरून आयोजीत करतले. ऑनलायन समुपदेशना सयत प्रवेशाची तरा वेंचून काडिल्या उमेदवारांकूच अधिकारपत्र कोडा सयत बसकेक वांटेकार जावपाक इन्वायट मेल धाडटले आनी अशें गोंय बैजकीय कॉलेजाच्या शिक्षणीक विभागाक ईमेला वरवीं आदींच कळीत करतले. प्रवेश मेळिल्या उमेदवारांनी तात्काळ एनइएफटी(NEFT) वरवीं ऑनलायन प्रवेश फी भरपाक जाय, पीजी नीट (PG NEET) टॅबा अंतर्गत गोमॅकोचे वॅबसायटी वरवीं फी भरपाची सविस्तर माहिती मेळोवंक शकता. ऑनलायन फी फारीक केले उपरांत, उमेदवारान रुजू पत्राची स्क्याण्ड प्रत फी फारिकणेच्या कागदपत्राच्या पुराव्या सयत ईमेला वरवीं सुपुर्द करपाक जाय. ऑनलायन प्रवेशाच्यो सगल्यो तरा तात्पुरत्यो आसतल्यो आनी सक्तीची कागदपत्रां प्रत्यक्षांत सुपुर्द केले उपरांतूच प्रवेशाची खात्री दिवपांत येतली.

गोंयचे भौगोलीक शिमे भितर आशिल्ला उमेदवारांक प्रत्यक्ष तरेन समुपदेशन सयत प्रवेशा खातीरची तरा वेंचपाची आनी हमीपत्र सुपुर्द करपाची विनंती केल्या.

प्रवेश फी फारीक करपाक उमेदवार पीजी प्रवेशा दिसा पर्याप्त रितीन तयार आसपाक जाय.

समुपदेशनाची तरा आनी वाहतूक पासा खातीरचे हमीपत्र फॉर्म “अकादेमीक टॅब" ह्या माथाळ्या खाला गोमॅकोच्या वॅबसायटी वेल्यान डावनलोड करूं शकता. पीजी अभ्यासक्रमांक रुजू जावपाची तारीख 01 जून, 2020 जावन आसा.

DI/NB/JA/SN/PP/LT/2020/1907

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA